**जीएसपीसीबीचे वतीन ध्वनी मॅपिंग आनी ध्वनी कमी करपा विशीं कार्यशाळा आयोजीत केली**

पणजीः 21 डिसेंबर 2023

गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान राज्यांत ध्वनी मॅपिंगा खातीर प्रकल्प सुरू करतना आयज जीएसपीसीबी साळगांव हांगा ध्वनी मॅपिंग, हॉटस्पॉट वळखप आनी शमन उपाय ह्या विशयाचेर कार्यशाळा घेतली. हे कार्यशाळेंत आवाजाच्या वेगवेगळ्या पैलूंचेर, आवाजाचें मॅपिंग आनी राज्यांतल्या आवाजाच्या हॉटस्पॉट वाठारांची वळख करून घेवपाचेर चर्चा जाली.

कार्यशाळेचें उक्तावण सीएसआयआर-केंद्रीय रस्तो संशोधन संस्थेचे संचालक डॉ. मनोरंजन परिदा हांच्या हस्तुके जालें.

श्री. परिदा हांणें आपल्या उलोवपांत जपान, हाँगकाँग, ऑस्ट्रेलिया आनी युरोप हांच्यांनी चालीक लायिल्ल्या वेगवेगळ्या शमन पद्दतींची माहिती दिली. ध्वनी मॅपिंगाचो प्रकल्प सीएसआयआर संस्थे वतीन एका वर्सा खातीर चालीक लायतले.

दिसान आनी रातीन दाखोवपी हॉटस्पॉट वाठार समतुल्य आवाजाच्या पातळीचे नदरेन गोंयच्या शारांच्या आवाजाचो नकासो तयार करपाचो हेतू ह्या प्रकल्पाचो आसा. कामाच्या व्याप्तींत येरादारी व्हॉल्यूम डेटा वाहनांचो वेग, रस्त्याचो तपशील, इमारतीची मांडावळ, आवाजाचो मॅपिंग सादर करपा खातीर मापशास्त्रीय आनी स्थलांकृतीक माहिती तशेंच ध्वनी प्रदुशण उणें करपाक शमन उपायांचो आसपाव आशिल्लो मुळावो डेटा एकठांय करप हे प्रकल्पा वेळार सुचयले.

गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचे अध्यक्ष श्री.महेश पाटील हांणी ध्वनी प्रदुशणाक तोंड दितना आवाजाची शास्त्रीय आनी कायदेशीर समज खूब म्हत्वाची आसा अशें सांगलें. दर्यादेग वाठारांतल्या आवाजाचेर नदर दवरपा खातीर जीएसपीसीबीन 12 ध्वनी मीटर बसयल्यात अशी माहिती तांणें दिली. ध्वनी मॅपिंग प्रकल्पाक लागून राज्यांतल्या ध्वनी प्रदुशणाचें स्पश्ट चित्र आनी समस्या उणी करपाक शास्त्रीय शमन पद्दत मेळटली अशें तांणें उक्तायलें.

आवाजाचें प्रदुशण उणें करपा खातीर सगल्या भागधारकांचो तेंको आनी सहकार्य, राज्यांत खरो बदल घडोवन हाडटलो अशें सीएसआयआरचे मुखेल शास्त्रज्ञ डॉ. नसीम अख्तर हांणें सांगलें.

तंत्रीक संचालक डॉ. टी. रवी शेखर हांणें लेगीत ह्या वेळार भाशण केलें. वांगडी सचीव श्रीमती शमिला मोंतेरोन येवकार दिलो. जीएसपीसीबीची शास्त्रज्ञ श्रीमती जेनिका सिक्वेरा ह्या वेळार हाजीर आशिल्ली. सरकारी अधिकारी, हॉटेलांचे आनी जायते वेवसायीक क्षेत्रांतले वरिश्ठ अधिकारी हे कार्यशाळेक हाजीर आशिल्ले.

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.